31 ऑक्टोबराक राष्ट्रीय एकता दिसा धावपाची सर्त

ता. 26 ऑक्टोबर 2026

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या जयंती दिसा राष्ट्रीय एकता दिसानिमतान खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान धांवपाच्या सर्तीचें आयोजन केला.

दिव्यांग व्यक्ती आनी ज्युनियर-10 वर्सां पिराये सकयल्या गटा खातीर मल्टिपर्पज इंडोर स्टेडिएम, कांपाल ते मिरामार सर्कल आनी परत (2 कि.मी.), 10 वर्सां पिराये वयर आनी 14 वर्सां पिराये सकयल (चले आनी चलयो) आनी 60 वर्सां पिराये वयल्या ज्येश्ट नागरिकां खातीर (दादले आनी बायलो) मल्टिपर्पज इंडोर स्टेडिएम, कांपाल ते सायन्स सेंटर आनी परत (3 कि.मी.), 14 वर्सां वयर आनी 18 वर्सां सकयल्या पिराय गटा खातीर मल्टिपर्पज इंडोर स्टेडिएम, कांपाल ते करंजाळे पेट्रोल पंप आनी परत (5 कि.मी.) आनी उकतो गट- 18 वर्सां वयर आनी 60 वर्सां पिराये सकयल्या गटा खातीर (दादले आनी बायलो) मल्टिपर्पज इंडोर स्टेडिएम, कांपाल ते दोनापावला सर्कल आनी परत (10 कि.मी.) अशी धांवपाची सर्त आसतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/661

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.